**किसान क्रेडिट कार्ड हो शेतकारांचो हक्क- मुख्यमंत्री**

21 नोव्हेंबर 2023

प्रत्येक शेतकारान किसान क्रेडिट कार्ड सुविधेचो लाव घेवपाक जाय. किसान क्रेडिट कार्ड हो प्रत्येक शेतकाराचो कायदेशीर अधिकार आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राष्ट्रीय कृशी आनी ग्रामीण विकास बँकेन (नाबार्ड) आयज पणजे आयोजित राज्य पतपुरवण चर्चासत्राच्या उक्तावण कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयतना सांगलें.

ह्या वेळार नाबार्डाच्या गोंय शाखेच्या कार्यालयान तयार केल्ल्या स्टेट फोकस पेपर 2024-25 चे अनावरण मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं जाले.

गोंय राज्यांत भाताच्या उत्पादनात वाड जाल्ली आसून राज्यांत तांदळाचेर प्रक्रिया करून तांदळाची निर्यात करपाची गरज आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें. नाबार्ड बँकेच्या वावराची तोखणाय करून नाबार्ड बँकेचे खास करून राज्याच्या ग्रामीण वाठारांत मुळाव्यो सुविधां निर्माण करपा खातीक सदाच हातभार लागला. कृशी आनी हेर उपक्रमांनी कुशळटाय वाडोवपा खातीर नाबार्डाचे मोलादीक योगदान आसा. नाबार्डान कृशी क्षेत्राच्या विकासा खातीर फकत आर्थिकच न्हय जाल्यार ज्ञानसंस्था म्हणूनय योगदान दिला, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

प्रधान सचीव (वित्त) डॉ. व्ही. कांदवेलू हांणी नाबार्ड बँकेन राज्यातल्या महिला बचत गटांक रीण सुविधा उपलब्ध केल्ले खातीर बँकेची तोखणाय केली.

नाबार्डाच्या गोंय कार्यालयाचे महावेवस्थापक डॉ. मिलिंद भिरुड हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं दिवचल प्रोग्रेसिव्ह शेतकरी उत्पादक संस्थेचे श्री. विश्वभर गावस, पेडणे तालुका शेतकरी उत्पादक संस्थेचे श्री. उदय प्रभुदेसाई, बार्देस तालुका शेतकरी उत्पादक संस्थेचे श्री. सुदेश मयेकर, तिसवाडी तालुका शेतकरी उत्पादक संस्थेचे श्री.प्रेमानंद म्हांबरे आनी सत्तरी तालुका शेतकरी उत्पादक संस्थेचे श्री.आत्माराम शेट्ये हांचो सत्कार केलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/897

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.